**वेंचणूक कार्यालयाची फाल्या राजकीय पक्षांवांगडा बसका**

ता. 4 सप्टेंबर 2023

लोकसभा वेंचणूक 2024 च्या फाटभूंयेर मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान फाल्या ता. 5 सप्टेंबर 2023 दिसा सकाळीं 11.30 वरांचेर गोंय राज्य कर भवन, आल्तिन-पणजी हांगा सगळ्यां राष्ट्रीय आनी राज्य मान्यताय राजकीय पक्षांची बसका आयोजीत केल्या.

बसकेत राजकीय पक्षांक ईव्हीएम आनी व्हिव्हिपॅट तपासणी कार्यक्रमा विशीं म्हायती दिवपात येतली. उत्तर गोंयात सरकारी जिमखाना, आल्तिन आनी दक्षीण गोंयात पोरणे जिल्हाधिकारी कार्यालय, मडगांव हांगा 4 ते 13 ऑक्टोबर मेरेन मतदान यंत्रांची तपासणी जातली. राजकीय पक्षांनी तपासणी प्रक्रियेक उपस्थित रावपा खातीर आपल्या प्रतिनिधींक धाडचे, अशें मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/691

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.